प्रादेशिक खबरो  02.02.2026 @ 7.20 pm

*केंद्रीय अर्थसंकल्प हो मानव/केंद्रित आसा आणि पथ/दर्शी सुधारणांसयत भारताची बुन्याद घटमुट करता अशे प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला

*केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सुदारणा आदारीत आनी लोकप्रधान असो विकसीत भारत अर्थसंकल्प सादर केला अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

*तुये हॉस्पिटलाच्या नव्या वास्तुचे उक्तावण आयज जाले

*पणजेंत 'गोवा पुस्तक महोत्सव 2026' 4 ते 8 फेब्रुवारी 2026 मेरेन नामनेच्या व्यक्तींच्या हाजिरेंत जातलो

Pm budget 60

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण यांनी २०२६-२७चो केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर केलो, जातुन उत्पादन, मुळाव्यो सुविधा आणि रोजगार निर्मितीक नेटान चालना दिल्या, तर कर आणि सीमा/शुल्क व्यवस्था सोपी करपाचो प्रस्ताव मांडला. केंद्रीय अर्थसंकल्प हो मानव/केंद्रित आसा आणि पथ/दर्शी सुधारणांसयत भारताची बुन्याद घटमुट करता अशे प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला.  हे इतिहासिक आणि देशाच्या सुधारणा मार्गाक गती दिवपाक आणि दीर्घकालीन विकासा खातीर उत्प्रेरक म्हणून वर्णन केला **Byte**

सुभाष 25

अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी मांडील्ले अदमासपत्रक विकासाभिमूख आसा. २०४७ मेरेन विकसीत भारताचे सपन साकार करपाक हें अदमासपत्रक मार्गदर्शक थारतले अशी प्रतिक्रिया असोचेम अध्यक्ष मांगीरिश पै रायकर हांणी दिली  byte

गणेश 70

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सुदारणा आदारीत आनी लोकप्रधान असो विकसीत भारत अर्थसंकल्प सादर केला. भांडवल खर्चांत वाड, नाल्ल आनी काजू उत्पादनाक अर्थीक मजत, वखदां उद्देगा खातीर खाशेली तजवीज, हाका लागून शेतकारांची येणावळ वाडटली आनी संवसारीक अर्थवेवस्थेचे दिशेन चालू आशिल्ली भारताची प्रगती नेटान जातली,अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणीम्हणला. केंद्रीय अर्थसंकल्पाक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत मंत्री तशेच सत्ताधारी आमदारांनी येवकार दिलो. मुखेलमंत्र्यां सयत हेर मंत्री तशेच आमदारांनी आपआपले वाठारात स्क्रीनीचेर अर्थसंकल्पीय भाशण आयकले.

सुभाष 65

फर्मागुडी - फोंडा हांगाच्या पी. ई. एस. रवी सिताराम नाईक महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान ४ फेब्रुवारी ह्या कोंकणी राजभास दिसा खासा कार्यावळ घडोवन हाडल्या. गोवा कोंकणी अकादेमीच्या जोड पालवान ही कार्यावळ आयोजीत केल्या. नामनेचे साहित्यीक एन. शिवदास ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हुण हाजीर रावतले जाल्यार साहित्यीक रामनाथ गावडे मानाचे सोयरे म्हूण हे कार्यावळीक उपस्थित रावतले अशें पी. ई. एस. रवी सिताराम नाईक महाविद्यालयाचे प्राचार्य विकास पिसुरलेकार हांणी कळीत केला.

रश्मि 90

अंदुचो शिगमो गोंयच्या 19 वाठारांनी 5 मार्च ते 18 मार्च ह्या काळात जातलो. तातूंत पारंपारीक सांस्कृतीक कार्यावळी आनी उत्सवाच्यो अश्यो कार्यावळी जातल्यो. शिगम्याचे खाशेले अशे आकर्शण म्हळ्यार रोमटामेळ. प्रत्येक रोमटामेळाच्या गटात सुमार १५० कलाकार वांटो घेतले. हे शिवाय पारंपारीक तशेच सैम आनी हेर तरेचे चित्ररथाची मिरवणुक जातली. सांजवेळा ४.०० ते राती १०.०० मेरेन थारायिल्ल्या वेळा भितर सगळ्यो कार्यावळी सोंपच्यो हे खातीर यत्न जातले अशें पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी पणजे पर्यटन भवनात आयोजीत केल्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते सांगले.अंदु शिगम्याच्या साधन सुविधांक दीतात त्या अर्थिक मजतीत 1 लाख रूपया वाढ केल्या अशी म्हायती केदार नायक हांणी दील्या.

रश्मि 240

तुये हॉस्पिटलाच्या नव्या वास्तुचे उक्तावण बद्द १२ वर्सा उपरांत आयज जाले. ह्यानफुडे तुये वाठारात वैजकीय म्हाविद्यालय आनी नर्सिग म्हाविद्यालय स्थापन करतले. ह्या प्रकल्पांक थळाव्या लोकांनी तेको दिवचो. गोंयची लोकसंख्या वाडटा. तशेच राज्यात येवपी पर्यटकांचो आकडो लेगीत वाडटा. हे फांटभुयेर बरी भलायकी सेवा दिवपाखातीर हे हॉस्पिटल महत्वाचे थारतले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हॉस्पिटलाचे उक्तावण केल्या उपरांत केली . फुडल्या ६ म्हयन्याभितर ओपरेथन थिएटर सुविधा कार्यरत जातली. जाल्यार आवश्यक तो मनीसबळ हांगा घेवपाची प्रक्रिया सरकारान सुरु केला. गोंयात वैजकीय शिक्षण घेतिल्लया आनी खासगी प्रेक्टीस करपी दोतोरांनी हेर राज्यात वचुन सेवा दिवच्यापरस गोंयच्या सरकार हॉस्पिटलांनी सेवा दिवची, तांका हेर राज्यानी दितात तितलोच पगार हांगा दितले अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केला. Byte-

१४० कोटी रुपया खर्च करुन हे हॉस्पिटल बांधला अशी म्हायती ह्यावेळार भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली. म्हपशेच्या जिल्हो हॉस्पिटलापरस हे चड व्हड अशे हॉस्पिटल आसतले अशे ह्यावेळार तानी सांगले. गोमेकॉचे डीन दोतोर राजेश पटिलाक ह्या हॉस्पिटलाचे नोडेल ऑफिसर म्हणून नेमणूक केला.ते सप्तकातल्यान दोन दिस हांगा येतले. 2027 वर्सा पयलीं मेडिकल आनी नर्सिंग कॉलेज तुयेत स्थापन करतले अशी घोशणा भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी केली.
ह्यावेळार पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार, मांद्रेचे आमदार जीत आरोलकार, आदले मुखेलमंत्री लक्ष्मीकांत पार्सेकार, गोमेकॉचे डीन दोतोर राजेश पाटील, तशेच भलायकी खात्याचे अधिकारी, पेडणे तशेच मोरजीचे नागरीक हाजीर आशिल्ले.

महेश 140

पणजेंत 'गोवा पुस्तक महोत्सव 2026' नॅशनल बुक ट्रस्ट (एनबीटी), भारत सरकार, गोंय सरकार आनी समर्थ युवा फावंडेशन हांणी जोडपालवान आयोजीत केला. हो भव्य पुस्तक महोत्सव पणजेंतल्या भावूसाहेब दयानंद बांदोडकर मैदानांत 4 ते 8 फेब्रुवारी 2026 मेरेन नामनेच्या व्यक्तींच्या हाजिरेंत जातलो. ह्या महोत्सवाचें

औपचारीक उक्तावण गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत करतले.ह्या वेळार कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर, एनबीटीचे अध्यक्ष प्रा. मिलिंद सुधाकर मराठे आणि हेर मानेस्त  उपस्थित आसतले. ह्या महोत्सवाचीं खाशेलपणा म्हणलयार शंबरां परस चड प्रकाशकांचे 200 स्टॉल हांगा आसतले. इंग्लीश, कोंकणी, मराठी आनी हेर भारतीय भाशांतल्या पुस्तकांचो खजिनो वाचप्यांक मेळटलो.महोत्सवांतल्या सगळ्या पुस्तकांचेर 10% सवलत दितले. सगळ्या नागरिकांक प्रवेश फुकट, आनी महोत्सवाचो वेळ सकाळीं 11 ते रातीं 8 मेरेन आसतलो.तशेच पांच दिसांच्या ह्या महोत्सवांत साहित्य, सिनेमा, इतिहास आनी अध्यात्म ह्या मळांवेले दिग्गज आसतले. हांतुत दिग्गज अभिनेतो आनी दिग्दर्शक सचिन पिळगांवकार, नामनेची अभिनेत्री मृणाल कुलकर्णी, साहित्य अकादमी पुरस्कार विजेते  सदानंद मोरे, नामनेचे विचारवंत आचार्य प्रशांत अनि फिल्म निर्माता  चंद्रप्रकाश द्विवेदी आसतले

महेश 85

मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, आमदार प्रेमेंद्र शेट आनी हेर मानेस्तांनी, कारापूर हांगा गोंय राज्य पाणथळ प्राधिकरणान आयोजीत केल्ल्या संवसारीक पाणथळ दिसा ह्या राज्य पांवड्यावेल्या कार्यावळींत उलोवप केलें. गोंयांत नंदा तळ्याचें रामसर स्थळ आनी शंबरांवयर  पाणथळ  भूंय आनी जैवविविधतायेची गिरेस्त स्थळा आसात, जी राज्याची सखोल पर्यावरणीय गिरेस्तकाय दाखयता. अंदूंचो विशय, “पाणथळ  वाठार आनी पारंपारीक गिन्यान: सांस्कृतीक दायजाची परब मनोवप” ही आसा जी सैमा कडेन जुळोवन घेव्पाची आणि जगपाची गोंयची पुर्विल्ली बुद्धी सोबीतकायेन उजवाडाक हाडटा.गोंय सरकारान पाणथळ वाठारांचो शास्त्रीय, समुदाय आदारीत संवर्धन आनी शाश्वत वापरा खातीर आपल्या दृढ वचनबद्धतेचा पुनरुच्चार केला

DIP 200

गोंय सरकाराची गोवा कोंकणी अकादेमी 04 फेब्रुवारी हो दीस दर वर्सा राजभास दीस म्हूण मनयता आनी ह्या दिसा निमतान वेगवेगळ्या कार्यावळींचें आयोजन करतात.

अंदू 39 व्या कोंकणी राजभास दिसा निमतान राज्य पांवड्यार 'राजभास, तरणाटो आनी गोंयचो फुडार' ह्या विशयाचेर व्याख्यानां घडोवन हाडपाचें थारायलां. तशेंच अकादेमीच्या शणै गोंयबाब सभाघरांत 4 तारखेक सांजेच्या 3:30 वरांचेर खाशेली कार्यावळ आयोजीत केल्या. ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण कोंकणींचे म्हालगडे आनी अखील भारतीय कोंकणी परिशदेचे अध्यक्ष फा. मौजीञ आताईद मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. तशेंच राजभास संचालनालयाचे उप-संचालक अनील सावंत मानाचे सोयरे आसतले. तशेंच हे कार्यावळींत 'राजभास, तरणाटो आनी गोंयचो फुडार' ह्या विशयाचेर डॉ. हनुमंत चोपडेंकार हांचे खास व्याख्यानआसतलें. त्या भायर अकादेमीच्या वेगेवेगळ्या येवजण्यां खाला 5 पुस्तकांचें विमोचन जातलें. हांतुत सुनील पालकार हांचें 'उदेंत', सुशांत लक्ष्मीकांत नायक हांचें 'होम मिनिस्टर', सम्राट बोरकार हांचें 'आयलव्ह यू', एन्थनी मिनेझीस हांचें 'हांव घोवाची बायल', अरूण आबा नायक हांचें 'म्हज्यो गोंयच्यो यादी'. हे कार्यावळींत कोंकणी विशयांत बी.ए. आनी एम.ए. पांवड्यार सगळ्यांत चड गूण मेळयल्ल्या विद्यार्थ्यांक अकादेमीच्या कोंकणी शिक्षणीक शिश्यवृत्ती येवजणे खाला शिश्यवृत्ती भेटवण सुवाळो जातलो.तशेंच राजभास दिसाचीं व्याख्यानां राज्य पांवड्यार सकयल दिल्ल्या महाविद्यालयांनीं आयोजीत जातलीं.- पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालय,सरकारी महाविद्यालय, सांखळी.- सारस्वत महाविद्यालय, म्हापशें.- सरकारी महाविद्यालय, केपें.- पी. ई. एस. महाविद्यालय, फोणें आस्पाव्ता

स्पोर्ट्स १५

इंटरनॅशनल मास्टर  राहुल संगमा हाणे वासुदेव वि धेंपो उकत्या फिडे मानांकन बुद्धिबळ सरतित विजेते पद पटकायले

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान  34 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 20.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.